113

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या महिन्याच्या ८ तारकेक आंतरराष्ट्रीय अस्तुरी दिसानिमतान नवी दिल्लीत राष्ट्रीय परिषदेचे उक्तावण करतल्यो. बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयाच्या “नारी शक्ती से विकसित भारत” ह्या विशयाचेर हे परिषदेचे आयोजन केलां. ह्या कार्यावळीत सशस्त्र दळ आनी निमलष्करी दलातल्या अधिकारी, दिल्ली पोलीस, माय भारत स्वयंसेविका, अंगणवाडी सेविका, आशा कार्यकर्ता आणि स्वयंसेवी गटाच्या वांगड्यासयत विंगडविंगड मळावेल्यो अस्तुरी वांटेकार जातल्यो. ह्या कार्यावळीत संवसारीक बँक, युनिसेफ, युनायटेड नेशन्स वुमन, यूएनडीपी आणि यूएनएफपीए यासारख्या आंतरराष्ट्रीय संस्थांचे प्रतिनिधी हाजीर आसतले. "SheBuildsBharat" या हॅशटॅगासयत सोशल मीडिया मोहीमेचे आयोजन करतले. आंतरराष्ट्रीय महिला दिनाविशी उलयतना, महिला आणि बालविकास मंत्री, अन्नपूर्णा देवी हांणी म्हळें की, हो दिस अस्तुऱ्यांच्या बहुआयामी उदरगतीचेर भासाभास करपाची आनी ते साध्य करपाखातीर येवपी आडखळे पयस करपाची संद दिता.

64

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांच्या युनायटेड किंगडमच्या भेटी मजगती फुटीरतावाद्यानी केलल्या सुरक्षेच्या उल्लंघनाचो भारतान निषेध केला. विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत फुटीरतावादी आनी अतिरेकी वृत्तीच्या ल्हान गटाच्या चिथावणी वेल्यान हि घडणूक झाल्याचे निवेदनांत म्हटला. भारतान ह्या कृतीचो निषेद केला आनी अशा घटकांनी लोकशाय स्वातंत्र्याचो गैरवापर केला अशें म्हळां. अशा वेळार येजमान सरकारान आपली राजनयिक बंधनां प्रमाण पुरायपणान काम करतले अशी अपेक्षा उक्तायल्या.

175

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उत्तराखंडाक वर्सभर पर्यटन स्थळ करपाचेर भर दिला. उत्तरकाशीच्या हरिसिल हांगा भौशीक मेळाव्यात उलोवप करून ताणें राज्या खातीर गिमाच्या पर्यटनाचे म्हत्व सांगले. उत्तराखंड- पर्यटनांत आतां वर्सभर ऑफ सीझन जावचें ना अशें मोदी हांणी स्पश्ट केलें.

हें दशक उत्तराखंडाचें, प्रगती खातीर नवे मार्ग उक्ते करपी आसा. गिमाच्या दिसांनी रिकामे हॉटेलां आनी होमस्टे हांकां लागून जावपी अर्थीक असंतुलनाचेर भर दिवन तांणी सांगलें की उत्तराखंडाची खरी सोबीतकाय चड प्रमाणांत आसता असो हो हंगाम आसा. राज्याच्या पर्यटन उद्देगाक बळगें दितना उत्तराखंडाच्या दैवी प्रभावाचो अणभव घेवप्यांक लागून वर्साचे 365 दीस पर्यटनाक चालना दिवपाचेर तांणी भर दिलो.

मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीचेर चर्चा करून प्रधानमंत्रीन चार धाम रस्तो प्रकल्प, रेल्वे विस्तार, हवाई जोडणी आनी दोरयेच्या प्रकल्पांचो उल्लेख केलो. गौरिकुंड-केदारनाथ आनी गोविंदघाट -हेमकुंड दोरयेच्या मार्गान यात्रेकरु आनी पर्यटकांक प्रवास करपाक खूब सोंपें जातलें अशें सांगले.

प्रधानमंत्री मोदी हाणें मुखबा गांवांत देवाची पुजा केली. थंय थळाव्या लोकांनी तांका लोक वाद्यां वांगडा येवकार दिलो. उपरांत तांणी हार्सिलच्या निसर्गरम्य हिमालयीन दृश्यांची तोखणाय केली तशेच तांणी ट्रेकिंग आनी बाइकिंग रॅलींक बावटो दाखयलो. शांतताय सोदपी लोकां खातीर हार्सिला एक परिपूर्ण स्थळ आसल्याचे प्रधानमंत्री मोदी हाणी सांगले.

सोनप्रयाग ते केदारनाथ 12.9 किलोमीटर लांबायेच्या दोरी मार्ग उदरगती खातीर सरकारान मान्यताय दिल्या अशें नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दिताना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पाचो वट्ट खर्च चार हजार कोटी रुपयां वयर आसतलो. 12.4 किलो मीटर हेमकुंड साहिब दोरी मार्ग दोन हजार 730 कोटी रुपया खर्च करून विकसीत करपाचो आसा, अशी म्हायतीय तांणी दिली.

---